भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# सॅमसन, देवाचो बळिश्ट मनीस

बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Lyn Doerksen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

बऱ्याच आदीं इज्रायल देशांत मनोआ नांवाचो एक मनीस रावतालो. ताका आनी ताचे बायलेक भुरगीं नाशिल्लीं. एक दीस सर्वेस्पराचो देवदूत श्रीमती मानोआक दिसलो. “तुमकां एक सामकें खाशेलें भुरगें जातलें” ताणें सांगलें.



तिणें आपल्या घोवाक ही अद्भुत खबर सांगली. मनोवान मागणें केलें, “ओ म्हज्या प्रभू... परत आमचे कडेन ये. भुरग्या खातीर आमी कितें करप तें आमकां शिकय.”





देवदूतान मनोवाक सांगलें, भुरग्यान केन्नाच केंस कापूंक फावना, केन्नाच सोरो पियेवंक फावना आनी कांय खाणा केन्नाच खावंक फावना. देवान ह्या भुरग्याक न्यायाधीश म्हूण वेंचून काडिल्लो. तो इझ्राएलाचें फुडारपण करतलो.





देवाच्या
लोकांक
आदाराची गरज
आशिल्ली हें निश्चीत. तांणी
देवाक आपल्या जिवितांतल्यान
भायर सोडलो आनी मागीर तांच्या दुस्मानांनी म्हणल्यार
फिलीस्तीनांनी तांकां आक्रमण केलें. पूण जेन्ना तांणी
मागणें केलें तेन्ना देवान आयकलें. संवसारांतलो सगळ्यांत
बळिश्ट मनीस जावपाचो हो बाळक ताणें धाडलो.



“त्या बायलेक एक पूत जलमलो आनी ताचें नांव सॅमसन दवरलें, आनी भुरगो वाडलो आनी सर्वेस्परान ताका आशीर्वाद दिलो. आनी सर्वेस्पराचो आत्मो ताचेर आशिल्लो.” सॅमसन खूब बळिश्ट जालो. एक दीस ताणें उक्त्या हातान एका तरणाट्या शिंवा कडेन झगडलो – आनी ताका मारलो!



उपरांत, सॅमसनान शींवाच्या मेल्ल्या कुडींत घोंस घाल्ल्या मधमाश्यांच्या झुंडांतल्यान म्होंवाची चव घेतली. ताणें एक पारकणे तयार केलें: “खावपयातल्यान कितें तरी खावपाक आयलें आनी बळिश्टांतल्यान कितें तरी गोड आयलें.”



अर्थ कोणाकच अदमास काडूंक
मेळ्ळो ना – पूण सॅमसनाची नवी बायल,
फिलीस्तीन, तिणें इश्टांक अर्थ सांगलें. ताका
लागून सॅमसोनाक खूब राग आयलो.

फिलीस्तीनांनी आपली बायल आपल्या इश्टाची बायल करपाक दिली तेन्ना सॅमसोनाक आनीकय राग आयलो. ताणें बदलो घेवपाची येवजण आंखली. पूण कशें? पयलीं सॅमसनान ३०० कोले धरले. उपरांत ताणें तांची शेंपडी दोन दोन करून एकठांय बांदून तांचेमदीं ज्वालामुखी मशाल दवरल्यो.



मागीर सॅमसनान फिलिस्तीनांच्या धान्य शेतांत कोल्यांक सोडले!



आतां फिलिस्तीनांक बदलो घेवपाची इत्सा आशिल्ली. सॅमसनान ताका धरून, बांदून आनी फिलीस्तीनांनी मारपाक हातांत दिवपाक परवानगी दिली.



पूण सर्वेस्पराचो आत्मो सॅमसनाचेर आयलो. ताणें दोरयो मोडून मेल्ल्या गाढवापसून ताजें जबड्याचें हाड उखलून १००० दुस्मानाक मारले.



पलिस्तीनांनी सॅमसनाक सोदलो. एके राती तांणी ताका एका शारांत आडखळून दवरलो आनी शाराच्या दारांक कुलूप लायलें. पूण सॅमसन भायर सरलो – शाराचीं दारां खांद्यार व्हरून!



पूण सॅमसनान देवाची आदन्या मोडली. जो मेरेन तो आज्ञापालन करतालो तो मेरेन देवान ताका बळगें दिलें. एक दीस सॅमसनान आपल्या बळग्याचें गुपत दलीला, हे सोबीत फिलिस्तीन गुप्तचराक सांगलें. तिणें सॅमसन न्हिदिल्लो आसतना ताचे केंस एका मनशाचो उपेग करून कापले.





मागीर फिलीस्तीन
सैनिकांनी दलीलाच्या
न्हिदपाच्या रूमांत
सॅमसनाचेर हल्लो
केलो. सॅमसनान खर
झूज केलें – पूण ताची
तांक गेली. ताच्या
दुस्मानांनी ताचे दोळे
भायर काडले.



कुड्डो आनी दुबळो सॅमसन फिलिस्तीनांचो गुलाम जालो. ते हांसले आनी देवाच्या सेवकाची फकाणां करताले.

फिलिस्तीनांनी मेजवानी केली. तांणी आपल्या दागोन, नुस्त्याच्या देवाची, तोखणाय केली, ताणें सॅमसनाक आपल्या हातांत दिल्ल्यान. ते दागोनाच्या देवळांत पियेले आनी खोशी जाले. मागीर तांणी सॅमसनाक आपले खातीर सादरीकरण करपाक आपयलो.



एका भुरग्यान सॅमसनाक हाडलो आनी ताका देवूळ उबारून दवरपी खांब्यांचेर आदारून रावपाक दिलो. छप्पराचेर ३००० फिलीस्तीन आनी देवळांत आनीक जायते आशिल्ले,



सगळे ताची फकाणां करताले.

पूण सॅमसनाचे केंस बंदखणींत वाडपाक लागले. आतां ताणें मागणें केलें, “हे देवा, म्हज्या दोनूय दोळयांचो बदलो घेवंक मेळचो म्हूण म्हाका होच एक फावट बळगें दि.”



देव परतून सॅमसनाक बळगें दितलो काय?



अशक्य काम सॅमसन करूंक शकतालो? हय! हय! ताणून आनी उंच जावन सॅमसनान बळिश्ट खांब्यांक जबरदस्तीन वेगळे केले. दागोनाचें देवूळ मोडून पडलें आनी हजारांनी फिलीस्तीनांक मरण आयलें – आनी सॅमसोनांक!

# सॅमसन, देवाचो बळिश्ट मनीस

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

न्यायाधीश १३-१६

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! ज़ुांव 3:16